# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं ई स्टॅम्प पेपर सेवेचो शुभारंभ

ता. 20 मार्च 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज राज्यांत ई स्टॅम्प पेपर सेवेचो शुभारंभ केलो. प्रशासनातल्या सुदारणेचे हे आनीक एक पावला आसा. 1 एप्रिल सावन राज्यांत स्टॅम्प ड्युटी डिजिटल पद्दतीन फारीक करपाची सेवा सुरू जातली. 9999 रूपयां वयल्या नोंदणी शुल्क रकमे खातीर ई स्टॅम्प सक्तीचे आसतले.

ई स्टॅम्प पेपर उपक्रमाक लागून राज्यांत प्रशासनातलो वेव्हार सोपो, सुरक्षीत आनी अडचण मुक्त जातलो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. पर्वरी मंत्रालयांत जाल्ल्या ई स्टॅम्प पेपर सेवेच्या शुभारंभ कार्यक्रमाक महसुलमंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू, महसूल सचीव संदीप जॅकीस उपस्थित आशिल्लें.

संगणकीय ई स्टॅम्प पेपर प्रशासकीय पद्दतीच्या अंमलबजावणीचेर देखरेख दवरपा खातीर केंद्रीय नोंदणी देखरेख एजन्सी म्हूण द स्टॉक होल्डिंग कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया ली. हांची नेमणूक केल्या. हे सेवेक लागून 10 हजार रूपयां सावन फुडल्या रकमेचे नोंदणी शुल्क थेट सरकारी तिजोरेंत जमा जातले. राज्यांत तालुका पांवड्यावयल्या महसूल विभागांनीय ही सेवा आसतली. स्टॅम्प ड्युटी फारीक करपाक वापरपात येवपी फ्रॅंकिंग मशीन सेवा 1 एप्रिल सावन बंद जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/259

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.